| बालवाटिका 1 | आकार आनी अवकाशीय समज | वेगवेगळ्या आकारांची वळख | 1. आकार, माप वा रंग हांचे मदीं एक वैशिश्ट वापरून जोड्यो लायता. | 1. वेगवेगळ्या भौमितीक आकारांचो परिचय करून दिवप.<br>2. वस्तू आनी तांचे आकार हें विशीचे गाणे म्हणप.<br>3. वेगवेगळ्या रंगांच्यो वस्तू आनी रंगकार्डा हांच्यो जोड्यो लावप.<br>4. समान रंगांच्यो वस्तू/ चित्रांत एक वेगळ्या रंगींची वस्तू/ चित्र दाखोवन सोयरो वळखप हो खेळ खेळप.<br>5. प्राणी, पक्षी आनी तांच्यो सावल्यो हांच्यो जोडयो लावप.<br>6. भेणो, बटाट, वांगे, ड्रायफ्रूट हांची कापा रंगीत बूडोवन ठसेकाम करप.<br>7. △, ○, □ ह्या भौमितीक आकारांची चित्रकार्डा भुरग्यांक दिवप. शिटी मारतना समान आकृती आशिल्यानी आपलो गट तयार करपाचो खेळ खेळप.<br>8. भौमितीक आकारांचेर बियो, खडे, मणी लावप. | भौमितीक आकारांची चित्रकार्डा, वेगवेगळ्या आकारांच्यो वस्तू, मणी, बटाट, वांगे, ड्रायफ्रूट, बिया, मणी, खडे, गाणी, भौमितीक आकारांच्यो आकृत्यो |
| बालवाटिका 1 | आकार आनी अवकाशीय समज | आकारांचे वर्गीकरण | 2. आकार, रंग, माप हें सारकें एका घटकाच्या माध्यमातल्यान तुलना आनी वर्गीकरण करता. | 1. समान भौमितीक आकाराक जुळपी वस्तूंचे वर्गीकरण करून ताकां वेगवेगळ्या पात्रांत दवरप.<br>2. △, ○, □ हें सारकें आकारातल्यान तांचेशी जुळपी वस्तूंची आकृती तयार करप. देख- सूर्य, पांखो, घर आनी हेंर. | वस्तू, पात्रां, कागद |
| बालवाटिका 1 | आकार आनी अवकाशीय समज | आकारांचे वर्गीकरण | 3. सुचोवण्याचें पालन करता. वस्तू, आकार, रंग, माप हेनुसार वस्तू जाग्यार दवरता. देख- तांबडो बोमाडो हाड आनी बॉल टेबलाचेर दवर. | 1. सुचोवण्यो दिवन वर्गीकरणाचीं कृती करपाक लावप. देख- हळदुवो लेस पिशवेंत दवर. चौकोनी कार्ड टेबलाचेर दवर. | लेस, कार्ड, पिशवी, टेबल |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता. वेगवेगळ्यो राशी, आकार, मापा हांचो वापर करून जग समजून घेता.
क्षमता : C-8.9 लागीच्या परिसरातली वस्तूची लांबी, वजन, आनी आकारमानानुसार सादी मोजमापा करपा खातीर साधन आनी एकक वेंचता..

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | मापन | लांबीचे मापन | 1. कविता आनी कथेद्वारा लांबी व्यक्त करपा खातीर उतरां संग्रह वापरता. (देख– लांबी, रुंदी, उंची, अंतर) | 1. वर्ग, बाग, शाळे भोंवतणच्या परिसरातली वस्तू, खेळणी, झाडां, पानां, फुलां दाखोवन तांची लांबी, रुंदी, उंचाय आनी अंतर हाचें खातीर वेगवेगळी उतरां. उतरां शिक्षिकेन वापरप आनी भुरग्यांक वापरपाची संदी दिवप. देख–<br>1) वर्गातले कपाट व्हड आसा.<br>2) मुखावयलो रस्तो खूब रूंद आसा.<br>3) ही बडी लांब आसा.<br>2. लांबी, रुंदी, उंची, अंतर ही उतरां आशिल्ली कथा सांगप. कृतियुक्त गाणी म्हणप. | बाग, वस्तू, खेळणी, झाडां, पानां, फुलां, आरमार, रस्तो, बडी, काणी, गाणी |
| बालवाटिका 1 | मापन | वजनाचे मापन | 2. कविता आनी कथेद्वारा वजन संकल्पना उक्ते करपा खातीर उतरां संग्रह वापरता. | 1. बागेंत सी–सॉ चेंर भुरग्यांक बसोवन कोण जड, कोण ल्हव हे सांगप.<br>2. टेनिस बॉल, कॉटनबॉल, खोडू, पानां, कापूस आनी हेर वस्तू हातात दिवन भुरग्यांक जड, ल्हव ही उतरां वापरपाची संदी दिता.<br>3. कविता, काणीयेंतल्यान जड, ल्हव ही उतरा वापरून वजनाची संकल्पना स्पश्ट करता. | सी–सॉ, टेनिस बॉल, कॉटन बॉल, खोडू, पानां, कापूस, कविता, काणी |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता. वेगवेगळ्यो राशी, आकार, मापा हांचो वापर करून जग समजून घेता.
क्षमता : C-8.10 मिनटां, तास, दीस, आठवडे, म्हयने, वेळेचे मोजमाप ह्या एकका मदीं कालमापन करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | कालमापन | आयज, फाल्या, काल | 1. दिसपट्टे जीणेंत आयज फाल्या काल हें सारकें उतरांचो वापर करता. | 1. दिसपट्ट्या जीणेंत घडपी घटनां आनी घडणूकांचो संदर्भात काल, आज, फाल्या ही उतरांचो वापर करून जाप दिवपाची संदी दिवप.<br>2. काल, आज आनी फाल्या हें उतरां प्रयोग आशिल्ली कविता म्हणप.<br>3. प्रदर्शनी फलकाचेंर तारीक, वार, म्हयनो, हवामानाची माहिती बरोवप हें संदर्भात भुरग्यांक काल आज आनी फाल्या हें उतरांचो वापर करून प्रस्न विचारप. | काणी, कविता, प्रदर्शनी फलक |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता. वेगवेगळ्यो राशी, आकार, मापा हांचो वापर करून जग समजून घेता.
क्षमता : C-8.11 १०० रु. सादे वेव्हार करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | आर्थीक संकल्पना | नाणी आनी नोटांची वळख | 1. कविता आनी काणयेच्या आदारान पैशा कडेन संबंदीत उतरां संपत्तीचो वापर करता. | 1. नाण्याचेर पातळ कागद दवरून ताचेर मेणाचो रंग घासून छाप तयार करप.<br>2. रुपये, पयशें, नाणी हांचो संदर्भ आशिल्ल्यो काणयो आनी गाणी आयकोवप. | नाणी, कागद, मेणाचे रंग, गाणी, काणी |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता. वेगवेगळ्यो राशी, आकार, मापा हांचो वापर करून जग समजून घेता.
क्षमता : C-8.12 राशी, आकार, अवकाश आनी मोजमाप हें संकल्पनाचे आकलन जावपा खातीर आनी संकल्पना व्यक्त करपा खातीर सुयोग्य आनी जाय तितलीं उतरां संपत्ती विकसीत करता..

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | गणितीय संप्रेशण | आकारनामे, गुणधर्म, नेमान भौमितीक आकार आनी गुणधर्म | 1. आकारांची नावां आनी तांचे काय गुणधर्म सांगता. | 1. नियमीत आनी अनियमीत आकाराच्यो वस्तू प्रत्यक्ष दाखोवन नियमीत वा अनियमीत भौमितीक आकार संकल्पना स्पश्ट करून सांगता.<br>2. भुरग्यांनी आकाराची नांवा वळखप, तांचे गुणधर्म सांगप.<br>3. ‘आकार शोध’ खेळ खेळप.<br>4. वेगवेगळ्यो आकाराच्यो आकृती मेणाच्या रंगांन रंगोवप. | वस्तू, आकृती, कागद, मेणाचे रंग. |

ध्येय : CG-8 भुरग्यांची गणितीय समज विकसीत जाता. वेगवेगळ्यो राशी, आकार, मापा हांचो वापर करून जग समजून घेता.
क्षमता : C-8.13 राशी, आकार, अवकाश आनी मोजमापा ह्या संदर्भात सोपी गणिता सोडयता आनी तयार करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | गणितीय कोडी | भौमितीक आकार (वर्तुळ, त्रिकोण आनी चौकोन) | 1. भौमितीक आनी हेर आकारांचेर आदारीत सोपी कोडी सोडयता. | 1. वेगवेगळ्या आकारांच्या खोदपट्टीत ते आकाराच्यो लाकडी वस्तू बसोवप.<br>2. ठोकळ्यांचो वेगवेगळ्यो रचना करप.<br>3. मनोरंजक भाशेंत विचारिल्ली कोडी सोडोवप आनी जाप सांगप. देख- 3 बाजू, 3 कोन दिसता. कितलें सुंदर सांगात पळोवया हांव कोण? जाप- त्रिकौण.<br>4. आकार सांगताच तें आकाराच्या वस्तूचे नांव सांगपाचो खेळ घेवप.<br>5. वेगवेगळ्यो आकारांच्यो वस्तू मेणाच्या रंगांन रंगोवप. | खोदपट्टी, लाकडी वस्तू, ठोकळे, कोडी, खेळ, कागद, रंग |

**विकास क्षेत्र : भाशां आनी साक्षरता विकास. (प्राणमय आनी विज्ञानमय कोश)**
ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भासामदीं संवाद साधपा खातीर प्रभावी संवाद कौशल्य विकसीत करतात.
क्षमता : C-9.1 सादी गाणी, बडबडगीत, आनी कविता आयकता आनी आवड उक्तायता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | श्रवण | बडबडगीता, गाणी, कविता | 1. वेगवेगळ्या प्रकारची गाणी, कविता आयकता. | 1. ल्हान बडबडगीता, गाणी, कविता आयकता.<br>2. हावभाव आनी आवाजातलो चडउताराचो वापर करून सादी-सोपी बडबडगीता आनी गाणी आयकोवप.<br>3. बावल्यो, खेळणी वापरून गाणी आयकप आनी भुरग्यांच्या मनांत गाणी आयकोपाची आवड निर्माण करप.<br>4. ध्वनिफितीवरील गाणी आयकतना भुरग्यां मुक्त हालचाली करून आनंद घेवपाची संदी दिवप. | बडबडगीता, गाणी, कविता, हातबावल्यो, खेळणी, ध्वनीफीत |
| बालवाटिका 1 | श्रवण, मौखीक, भाशां उतरां संपत्ती | बडबडगीता, गाणी, कविता | 2. सादी गाणी, बडबडगीता आयकून म्हणटा | 1. आयकल्ली बडबडगीता, गाणी, कविता, हावभाव आनी आवाजातल्या चडउतारा सयत म्हणप.<br>2. बडबडगीता म्हणतना हातबावल्यो आनी खेळण्यांचो उपयोग करप.<br>3. खंजीर, ढोलक, टाळ्या हांचे सयत टिचरीन गाणी आयकोवप आनी भुरग्यांक गाणी म्हणपाची संदी दिवप.<br>4. गाण्यांच्या ध्वनिफीती आयकोवप. | बडबडगीत, गाणी, हातबावल्यो, खेळणी, खंजीर, ढोलक |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भासामदीं संवाद सादपा खातीर प्रभावी संवाद कौशल्य विकसीत करतात.
क्षमता : C-9.2 स्वता गाणी, कविता करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | श्रवण, भाशण, सर्जन | गाणी, कविता, ध्वनीची जाण, आस्वाद | 1. परिचीत गाणी आनी कवितांचो आनंद घेवप. | 1. परिसरातील गाणी तालसुरात आयकोपाची संदी दिवप.<br>2. ध्वनिफीत आनी चित्रफीतीद्वारा गाणी आयकपाची आनी आनंद घेवपाची संदी दिवप.<br>3. सवणी, प्राणी, भाज्यो, फळां, गाडयो हें सारके विशयाचेर भुरग्यांच्या भावविस्वातली गाणी परत-परत आयकपाची संदी दिवप.<br>4. भुरगीं बडबडगीत आनी परिचीत गाणी म्हणतना ताकां तातूंत स्वताचे ध्वनी, अक्षरां, उतरां जोडपाची संदी दिवप.<br>5. शाळेच्या सांस्कृतीक कार्यक्रमात थळावे सण-उत्सवा वेळार गाणी सादर करपाची संद दिवप. | गाणी, ध्वनिफीत, चित्रफीत, सांस्कृतीक कार्यक्रम, उत्सव |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भासामदीं संवाद साधपा खातीर प्रभावी संवाद कौशल्य विकसीत करतात.
क्षमता : C-9.3 अस्खलितपणान आनी अर्थ पूराय संभाशण करतात.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | श्रवण संभाशण | गाणी, काणी, भासाभास | 1. लक्ष दिवन आयकता आनी सरभवतणच्या लोकांकडेन भासाभास करता. | 1. गाणी, काणी, भासाभास हाचेर उपक्रम घेवप.<br>2. काणी, गाणी, भासाभास भुरग्यांक उक्तावपाक जावपाची संदी दिवप.<br>3. चित्रवाचन, चित्रवर्णन, चित्रभासाभास, आयोजन करप.<br>4. दिसपट्टे व्यवहारातलो भासाभाशेंच्यो चित्रफीत पळोवप.<br>5. बावलेघर, रांदची कूड, खेळणी घर हें सारकें अध्ययन कोनशांत भुरग्यांक खेळ खेळतना खूब उलोवपाची संदी दिवप.<br>6. बोलक्यो बावल्याचो दिसपट्टी जीणेंचेर आदारीत संवाद आयकप. | काणी, गाणी, भासभास, चित्रां, चित्रफीत, बाबलीघर, खेळणीघर, स्वयंपाकघर, बोलक्यो बावल्यो, गाणी, काणी, भासभास, चित्रां, चित्रपट्ट्या, चित्रफीत, बावलेंघर, खेळणीघर, रांदची कूड, बोलक्यो बावल्यो |
| बालवाटिका 1 | भासाभास | उतरां संग्रह विकास, अभिव्यक्ती | 2. ल्हान अर्थपूर्ण वाक्यांच्या माध्यमातल्यान गरजो आनी भावनां उक्तायता. | 1. वेगवेगळ्या घटनांची निर्मणी करून दरएक भुरग्यांक ताच्यो भावना आनी विचार उक्तावपाची संदी दिवप.<br>2. भुरग्यांच्या दिसपट्टे जीणे कडेन संबंदात गरजाची यादी करून तें संदर्भात गरजाची यादी करून तें संदर्भात उतरां योजना भुरग्यांक आयकोवप.<br>3. भासाभास माध्यमांतल्यान भुरग्यांक आवडीचे पदार्थ, खेळणी हें विशीं उलोवपाची संदी दिवप.<br>4. भुरग्यांक दिसपट्ट्या जीणें कडेन संबंदीत संभाशणाच्यो चित्रफीत दाखोवप.<br>5. बोलक्यो बावल्यांची भासाभास आयकप. | उतरांयेवजण, चित्रफीत, बोलक्यो बावल्यो |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भासामदीं संवाद साधपा खातीर प्रभावी संवाद कौशल्य विकसीत करतात.
क्षमता : C-9.4 कठीण काम पुराय करपा खातीर मौखीक सुचवण्यो समजून घेता आनी हेरांक तश्योच तोंडी सुचवण्यों दिता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | भासाभास | संवाद, सुचवण्यो | 1. ल्हान स्वरूपात सुचोवण्यो आयकता. तांचे अनुपान करता. (देख– ठोकळे हाडप, हात धूवप) | 1. सुचवण्यो आनी कृतीचो खेळ खेळप. देख– सैनिक टाळी वाजयता, सैनिक उडी मारता. (टाळी मारप, उडी मारप.)<br>2. सुचवण्यो आयकता ते भुरग्या खातीर टाळ्यो वाजोवन प्रेरणा दिवप.<br>3. कमीत कमी उतरांच्यो सुचवण्यो आनी अनुपालन हांचो सराव करून घेवप.<br>4. सुचवण्यो आनी अनुपालनाविशीं चित्रफीत दाखोवप. | खेळ, चित्रफीत |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भासामदीं संवाद साधपा खातीर प्रभावी संवाद कौशल्य विकसीत करतात.
क्षमता : C-9.5 कथन केल्या/ वाचिल्यो काणी समजून घेता आनी तातूंतली पात्रां काणयेची कल्पना आनी बरोवप्याक कितें सांगप हें लक्षांत घेता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | श्रवण | काणी | 1. थोड्या वेळा खातीर ल्हान स्वरूपाच्यो काणयो जतनायेंन आयकता. | 1. भुरग्यांच्या भावविश्वा कडेन संबंदीत ल्हान–ल्हान काणयो सांगता.<br>2. काणी सांगतना हावभाव, आवाजातलो चडउतार, बोलक्यों बावल्यो, खेळणी, चित्रां हांचो योग्य वापर करून भुरग्यांक काणयांचो आनंद दिवप.<br>3. भुरग्यांक बोलक्यो बावल्यो, चित्रां, खेळणी, हांचो वापर करून काणयतले संवाद म्हणपाचो यत्न करप. | काणी, बोलक्यो बावल्यो, खेळणी, चित्रां |

ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भासामदीं संवाद साधपा खातीर प्रभावी संवाद कौशल्य विकसीत करतात.
क्षमता : C-9.6 स्पश्ट कथानकासयत लघुकथा आनी पात्रां हांचे कथन करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | -- | -- | 1. हें वयोगटा खातीर अध्ययन निश्पती ना. | -- | -- |

| ध्येय : CG-9 भुरगीं दोन भासामदीं संवाद साधपा खातीर प्रभावी संवाद कौशल्य विकसीत करतात.<br>क्षमता : C-9.7 दिसपट्टे/ संवाद परिणामकारकरित्या साधपा खातीर उतरां आत्मसात करता आनी आत्मसात केल्ल्या उतरांचो वापर करून नवें उतरांचो अर्थ लायता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 1 | भासाभास | उतरांसंग्रह, चित्रवाचन | 1. दिसपट्टे वळखीच्या काय वस्तू आनी अणभव हें खातीर योग्य उतरांचो वापर करता. (देख- स्वताचें नांव, इश्टाचें नांव, सामान्य वस्तू, चित्रा, गोड-आंबट, गोल-मोठो आकार सांगता) | 1. चित्रांचे निरीक्षण करून तातूंत दिसपी वस्तू, व्यक्ती हांची नांवा सांगत चित्रांतल्या कृतीविशीं भुरग्यांनी उलोवप.<br>2. चित्रा, चित्रफीत वापरून तशेंच प्रत्यक्ष दाखोवन प्राणी, पक्षी, वस्तू, व्यक्ती, पदार्थ हांचो परिचय करून दिवप.<br>3. भासाभास करतना भुरग्यांन आपले नांव आनी आपल्या इश्टांचे नांव सांगप.<br>4. वेगवेगळ्यो अध्ययन प्रसंगांची निर्मिती करून वस्तू, व्यक्ती, रंग, आकार, नाती, चव हें विशीं शब्द संग्रह वाठोवप. | चित्र, चित्रफीत, वस्तू, पदार्थ |

| ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.<br>क्षमता : C-10.1 शब्दध्वनीची जाणीव जावन शब्दध्वनी/ अक्षरां शब्दांत गुंथता आनी उतरां पासून शब्दध्वनी/ अक्षरा वेगळी करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 1 | भासाभास | बडबडगीता | 1. बडबडगीता म्हणटा. | 1. हावभाव आनी आवाजातलो चढ-उताराचो वापर करून तालासुरात बडबडगीता म्हणटात.<br>2. उतरांची पुनरावृत्ती आशिल्ली आनी उच्चारांची आशिल्ली बडबडगीता म्हणटा.<br>3. वर्गांत, परिपाठात, सांस्कृतीक कार्यावळ परिचीत बडबडगीतांची ध्वनिफीत आय़कता. | -- |
| बालवाटिका 1 | भासाभास | उतरांचें उच्चार, ध्वनीची जाणीव, ध्वनी-चिन्न संबंद | 2. अक्षरध्वनीची नक्कल आनी निर्मिती करतात. | 1. भुरग्यांक परिचीत आशिल्ल्या वस्तूचें चित्र आनी तें वांगडां आशिल्ले उतरां दाखोवप. शिक्षिकेन नांव वाचप आनी भुरग्यां कडल्यान म्हणून घेवप.<br>2. सराव करून चित्रांच्या उतरांचो योग्य उच्चार करपाची संदी दिवप.<br>3. वैयक्तिकरित्या गटात आनी पंगडांत अक्षरां म्हणपाक सांगप.<br>4. र, ल, श, स हे सारकें अक्षरांचो योग्य उच्चार आयकूपाची आनी स्वता आयकपाची संदी दिवप.<br>5. अक्षरांच्या उच्चारांची मजा आसपी बडबडगीता, गाणी म्हणप. गाणी म्हणतना भुरग्यांक स्वताची अक्षरां, उतरां, ध्वनी मिसळावपाची संदी दिवप. | चित्रां, शब्दयुक्त, चित्रां, बडबडगीतां, गाणी |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-10.2 पुस्तकांची बुनयादी रचना/ स्वरूप, मुद्रित अक्षरांची कल्पना वळखता, मुद्रित जाल्या मजकुराची दिशां समजून घेता आनी पुस्तकातली प्राथमीक विराम चिन्ना वळखता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | वाचनपूर्व तयारी | उतरां, वळख, चिन्ना, प्रतिका | 1. सर्वसामान्य चिन्नां, प्रतिका आनी मुद्रा (लोगो) वळखता. (देख-विशिश्ट बिस्कीट वा साबण पळोवन वळखता) | 1. दिसपट्टें वापरांतल्यो वस्तू आनी ताचे आवरण भुरग्यांक दाखोवप.<br>2. घरातले वस्तूचें रपर वर्गांत हाडपाक सांगप.<br>3. भुरग्यांन हाडिल्ले वेश्टण दाखोवन ताचेर भासाभास करप.<br>4. वेश्टणांचेर आदारीत सोपे प्रस्न विचारप. वेश्टणावेली चित्रां, चिन्ना, प्रतिका, मुद्रा हांची भुरग्यांक म्हायती दिवप.<br>5. भुरग्यांक वेश्टणांचो संग्रह करपाक सांगप.<br>6. भुरग्यांक वळखीच्या आशिल्ल्या परिसरांतल्या फलकांवेल्यो सुचवण्यो, वेगवेगळी चिन्ना, प्रतिका हे बद्दल संभाशण करता. | वेगवेगळे वस्तूचें आवरण, फलक |
| बालवाटिका 1 | वाचन | चित्रवाचन, पुस्तक हाताळप | 2. मुद्रित मजकूर आनी चित्रांमदलो फरक करता. | 1. खूप व्हडली आनी चड चित्रां आशिल्ली पुस्तकां हाताळपाक दिवप.<br>2. पुस्तक हातात कशें धरतात, पानां कशी परतीतात हाचे प्रात्यक्षीक शिक्षिकेन करून दाखोवप.<br>3. पुस्तकाचें टप्याटप्यान सहभागी वाचन करून घेवप.<br>4. दरएक भुरगें वाचनात सहभागी जाता हाचें कडेन लक्ष दिवप.<br>5. ल्हान-ल्हान प्रस्न विचारून भुरग्यांची जिज्ञासा जागृत करप.<br>6. मुद्रित मजकूर आनी चित्रां हातूंतलो फरक वळखूपाक प्रोत्साहन दिवप. | चित्रपुस्तकां |
| बालवाटिका 1 | वाचन | चित्रवाचन, अनुवाचन | 3. चित्रमय काणयेंच्या परिचीत पुस्तकांचे वाचन करता अशें दाखयता. | 1. चित्रमय काणयाची परिचीत पुस्तकां भुरग्यांक पळोवपाक दिवप.<br>2. चित्रां दाखोवन सादे सोपे प्रस्न विचारप.<br>3. चित्रांचे वर्णन करपाक प्रोत्साहन दिवप.<br>4. चित्रमय काणयेच्या पुस्तकांतल्या परिचीत काणयाचें शिक्षकान वाचन करप, भुरग्यां कडल्यान वाचन करून घेवप. भुरग्यांच्या वाचनाचो स्वीकार करप. | चित्रमय पुस्तकां |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-10.3 भाशां एक (L1) च्या लिपियेतली सगळी अक्षरां आनी अवयव वळखता आनी हें ज्ञानाचो उपेग शब्द वाचन-लेखना खातीर करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | लिपी परिचय | ध्वनिचिन्न, ध्वनीची जाण | 1. उतरां ही अक्षरांपासून तयार जाता ही म्हायती करून घेता. | 1. परिचीत आशिल्ल्या उतरांची अक्षरां आनी तांचे उच्चार ध्वनी हांची वळख करून दिवप. उतरांतली दरएक अक्षर वेगळे काडून ताची सुवात आनी उच्चार कसो जाता हें दाखोवप आनी उच्चार करून घेवप.<br>2. उतरांचो उच्चार आनी ताचें उपरान्त तातूंतली अक्षरा इतल्यो टाळयो वाजोवपाचो खेळ घेवप. (देख- कप-दोन टाळयो, कमळ- तीन टाळयो)<br>3. समान अक्षकार्ड जुळोवप.<br>4. चित्र-चित्रा वांगडां फक्त उतरां हीं वळख करून दिवप.<br>5. उतरां भेंडयाचो खेळ घेवप.<br>6. दिल्ल्या अक्षरांवेल्यान उतर तयार करप.<br>7. लेखना पयलीची तयारी करप. हातांच्या स्नायूंचो विकास जावपाखातीर कागद पिंजप, धान्य निवळ करप, खोडवान भिरकाटावप हें सारकी कृती करप. | अक्षरकार्डा, चित्रां, शब्दकार्डा, कागद, खडू, धान्य |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-10.4 भाशा एक (L1) मदली कथा आनी उतारो योग्य जाग्यार विराम दिवन आनी आवाजातलें चडउतारा सयत अचूकपणान आनी सरळपणान वाचता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | -- | -- | 1. हें वयोगटाखातीर अध्ययन निश्पत्ती ना. | -- | -- |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-10.5 स्वता जावन पात्रांची वळख कथाबीज, आनी बरोवप्याक जे सांगपाचे आसा ते समजून काणी वाचता आनी ताचो अर्थ समजून घेता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | श्रवण, आकलन | गाणी, काणी, नाट्यछटा, नाटिका | 1. प्रकट वाचन करता आनी टिचरीन विचारिल्ल्या प्रस्नांची जाप दिता. | 1. वेगवेगळे प्राणी, पक्षी, वस्तू, आदिचेंर आदारीत योग्य हावभाव आनी आवाजातल्या चड उताऱ्या सयत गाणी, काणी, नाट्यछटा, नाटिका भुरग्यांक वाचून दाखयता. ताचेंर आदारीत प्रस्न विचारता.<br>2. वाचिल्ली काणी, नाटिका, नाट्यछटा हाचेंर भासाभास करप. | काणी, गाणी, नाटिका, नाट्यछटा |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | वाचन | चित्रवाचन, उतरां संग्रह | 2. चित्रपुस्तका वाचता आनी कृती आनी वस्तू वळखता. | 1. नादमय आशिल्ली उतरां, उतरांच्या पुनरावृत्तीतल्यान रंजन करपी, रंगीत भरपूर चित्रां आशिल्ली, कमी मजकूर आशिल्ली व्हडल्या आकाराची काणी पुस्तकां भुरग्यांक वाचपाक दिवप.<br>2. चित्रांची नावां, कृती, वस्तू, प्राणी आनी पक्षी वळखपां खातीर भुरग्यांक प्रोत्साहन दिवप.<br>3. काणयेतल्या पात्रां विशीं प्रस्न विचारून भुरग्यांक उलोवपाक लावप. | चित्रपुस्तकां |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-10.6 कवितेतली कल्पना आनी उतरां येवजण हांचे रसग्रहण करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | -- | -- | 1. हें वयोगटातली अध्ययन निश्पती ना. | -- | -- |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-10.7 ल्हान बातम्यो, सुचवण्यो, पाककृती आनी प्रकाशीत साहित्य वाचता आनी तातूंतल्या अर्थाचे आकलन करून घेता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | -- | -- | 1. हें वयोगटातली अध्ययन निश्पती ना. | -- | -- |

ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-10.8 स्वताक समजल्यो काणयो सांगपा खातीर आनी स्वताचे अणभव उक्तावपा खातीर लेखन करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | लेखन | लेखना पयलींची तयारी भिरकाटावप | 1. उभ्यो-आडव्यो रेशो, टिंब, अर्धगोल, गोल इ. चिन्ना कागदाचेर उमटयता. आपणे कितें बरयला तें एक-दोन उतरांन सांगता. | 1. चित्र आनी खेळाच्या स्वरुपात उब्यो रेशो, आडव्यो रेशो, टिंब, अर्दगोल, गोल ह्या आकृतीचो परिचय करून दिवप.<br>2. उब्यो वळीं, आडव्यो वळीं आनी हेंर आकारांच्या आकृतीत चिंचारे, खडे, पानां, फुलां, मणी हांची रचना करप.<br>3. उब्यो, आडव्यो वळीं आनी हेर आकाराची बडबड गीतातल्यान आनी गाण्यातल्यान वळख करून दिवप.<br>4. भुरग्यांक उभ्यो वळी, आडव्यो वळी, टिंब, अर्दगोल, गोल, हेंर चिन्ना कागदाचेर भिरकटावप संदी दिवप. ताणी काडिल्ल्या आकारा विशीं भासाभास करून तातूंत कितें बरयला हें जाणून घेवप. | गाणी, चिंचारे, खडे, मणी, पानां, फुलां, कागद, पेन्सील |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | सर्जन-शीलता | प्रतिभा, कला, अभिव्यक्ती | 1. चित्र काडटा, रंगयता आनी रेखाटनाचो हेतू तोंडी सांगता. | 1. भुरगीं आपल्या आवडीचे चित्र काडटा, रंगयता.<br>2. काडिल्ल्या चित्रांविशीं संभाशण करून भुरग्याचे विचार, कल्पना, भावना जाणून घेता. | कागद, पेन्सील, मेणाचे रंग |
| ध्येय : CG-10 भुरगीं भाशां एक (L1) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.<br>क्षमता : C-10.9 भुरग्यांखातीर आशिल्ले वेगवेगळ्या पुस्तका वाचप्यांक रूची दाखयता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 1 | श्रवण | वाचनपूर्व तयारी, रसग्रहण | 1. वाचून दाखयिल्ल्या कविता आनी काणी हांचे मदीं रूची दर्शयता. | 1. भुरग्यांक आकर्शक चित्रां दाखोवन ताचेंर आदारीत बडबडगीता, कविता वेगवेगळ्या वाद्यांचेंर साथीन म्हणप आनी भुरग्यांक म्हणपाक सांगप.<br>2. चित्रपुस्तकांतली चित्रांचेंर आदारींत काणीं सांगप.<br>3. भुरग्यांक आवडपी बडबडगीतां, कवितांचे, काणयेचे सादरीकरण करपाची संदी दिवप. | चित्रमय पुस्तक, बडबडगीतां, कविता, काणी |
| बालवाटिका 1 | वाचन | चित्रवाचन, विचार, कल्पना | 2. पुस्तका जतनायेन हाताळता. | 1. भुरग्यांक बडबडगीतां, गाणी, काणी, चित्रमय पुस्तकां निवडपाची आनी हाताळपाची संदी दिता.<br>2. भरपूर चित्रां, कमी मजकूर आशिल्ली काणयेची पुस्तका, शिक्षकान भुरग्यां वांगडा बसून स्वता वाचप आनी पुस्तकांतली चित्रां कडेन भुरग्यांचे दिसपट्टी जीण जोडप.<br>3. वाचन कोनसो, आकर्शक वाचनालय हें सारकें उपक्रमांतल्यान वाडदिसा पुस्तका दिवपाची संदी निर्माण करप.<br>4. भुरग्यांक स्वताचो पुस्तक संग्रह निर्माण करपा खातीर प्रोत्साहन दिवप. | चित्रमय पुस्तकां, वाचनकोनसो, आकर्शक, वाचनालय, पुस्तकां |
| ध्येय : CG-11 भुरगीं भाशां दोन (L2) बरें तरेंन वाचन, लेखनाक सुरवात करता.<br>क्षमता : C-11.1 शब्दध्वनीची जाणीव जावन शब्दध्वनी/ अक्षरां एकठांय करून उतरां तयार करता आनी उतरांमदले शब्दध्वनी/ अक्षर वेगळी करता. | | | | | |
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 1 | -- | -- | 1. हें वयोगटाक अध्ययन निश्पत्ती ना. | -- | -- |

ध्येय : CG-11 भुरगीं भाशां दोन (L2) हातूंत बरें रितीन वाचन आनी लेखन करतात.
क्षमता : C-11.2 लिपीयेतली परत परत येवपी उतरां वळखता आनी ते ज्ञानाचो उपेग उतर वाचपाक, बरोवपाक करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | -- | -- | 1. हें वयोगटाक अध्ययन निश्पत्ती ना. | -- | -- |

**विकास क्षेत्र : सौंदर्यात्मक आनी सांस्कृतीक विकास (आनंदमय कोश)**
ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेंत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करतात आनी तांच्यो भावना अर्थपुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेच्या माध्यमातल्यान उक्तायतात.
क्षमता : C-12.1 वेगवेगळ्या आकाराच्या द्विमितीय (2D) आनी त्रिमितीय ((3D) कलाकृती तयार करपा खातीर वेगवेगळ्या प्रकारचे साहित्य आनी साधना हाताळता आनी तें बरोबर खेळटा.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | दृश्यकला | कलासाधना हाताळप | 1. योग्य कलासाहित्य, साधनां आनी उपकरणां हातळटा. | 1. कलेखातीर लागपी वेगवेगळ्या साधनां टिचरीन प्रत्यक्ष कृती करून ती कशी हाताळप हें दाखोवप.<br>2. कलेखातीर लागपी वेगवेगळी साधनां भुरग्यांनी हाताळपाक दिवप. देख- कागद सरळ पिजप, भिरकटावप, मेणाच्या रंगान आकृती रंगोवप, मातयेचे गूळे करप, मळिल्ल्या पिठांक आकार दिवप, ठसेकाम करप.<br>3. भुरग्यांक मुक्तपणान कलेची साधना वापरपाची संदी दिवप.<br>4. कलासाधना वापरतना घेवपाच्या जतनाये संबदी सुचोवणी दिवप. | कागद, खोडू, मेणाचे रंग, माती, पीठ, ठसेकामाच्या वस्तू |
| बालवाटिका 1 | दृश्यकला | द्विमितीय, त्रिमीतीय प्रतिमा सोदप | 2. दृश्य कलाकृतींत ठसे, वळीं आनी, हेंर द्विमितीय (2D) आनी त्रिमितीय (2D) प्रतिमा तयार करतना ल्हान आनी व्हड आकार सोदतात. | 1. द्विमितीय प्रतिमेक रंग दितना, ठसेकाम करतना, चिकटकाम करतना ल्हान, व्हड आकारांचो उपेंग करप. देख- कागदाचें गूळे करून ल्हान वर्तूळ ठसे वापरून रंगोवप. ल्हान-व्हडल्या गुळ्यांचो वापर करप.<br>2. रेंवेंत वा मातीत काडयेंन वेगवेगळ्या आकाराच्यो रेघोट्यो मारप.<br>3. कागदाचेंर ल्हान-व्हडल्यो टिकल्यो चिकटोवप.<br>4. रंगीत कागदाचें तुकडें चिकटोवप.<br>5. बॉक्साचेंर ल्हान-व्हड स्टार चिकटोवप. | कागदाचें गुळें, रंग |
| बालवाटिका 1 | दृश्टकला | ठसेकाम, आकृती | 3. साहित्य एकठांय मिसळून छाप आनी आकृती तयार करता. | 1. भेंणो, कांदो, बटाट हांची कापा रंगात बुडोवन ताचे ठसे मारप.<br>2. कागदाचें गुळ्यांक दोर बांदून वेगवेगळ्या रंगांचें आनी आकाराचें ठसे काडप.<br>3. ओल्या मातयेचे वा मळिल्ल्या पिठाचे वेगवेगळे आकार तयार करून ताचेंर वेगवेगळे वस्तूचें ठसे मारप. | भेंणो, कांदो, बटाट, कागद, दोरो, माती, पीठ, उदक |
| बालवाटिका 1 | दृश्यकला | ठसेकाम | 4. ब्लॉक्स, स्टेन्सिल, मेळिल्ल्यो वस्तू आनी नैसर्गिक साहित्य हांचे ठसे काडटा. | 1. काकणां, ठोकळे, स्टेन्सिल, खोडरबर हें सारकें साहित्य जमावन तांचे वेगवेगळे रंगांतले ठसे पोरण्यां वर्तमानपत्राचेंर, कागदाचेंर काडप. | काकणा, ठोकळे, स्टेन्सिल, खोडरबर, खबरापत्रा, कागद |

ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेंत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करतात आनी तांच्यो भावना अर्थपुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेच्या माध्यमातल्यान उक्तायतात.
क्षमता : C-12.2 संगीत, भूमिकाभिनय, नृत्य आनी वेगवेगळ्यो हालचाली हांची निर्मिती करपाखातीर स्वताचो आवाज, शरीर, जागा आनी वेगवेगळ्यो वस्तू हांचो चौकसपणान उपयोग करता आनी खेळटा.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | आवाज, ध्वनी | आवाज, निर्मिती, तालबद्धता | 1. स्वताचो आवाज आनी शरिराचो वापर करून तालबद्धतेचो सोद घेता. (टाळ्यो, चुटक्यो, पावलांचो आवाज, हाताच्यो हालचाली, उडयो, बडबडगीता) | 1. बडबडगीता, गाणी, कविता म्हणतना जुळतात अशें पद्धतीन टाळयो वाजोवप/ चुटक्यो वाजोवप.<br>2. तोंडान वेगवेगळे तालबद्ध आवाज काडप. देख–<br>1) ओठांचो वापर करून 4, 4, 4 असो आवाज.<br>2) जीबेचो वापर करून टण्, टण्, टण् असो आवाज.<br>3) घुमचे कटर घुम.<br>3) शारिरीक अवयवाचो वापर करून तालात वेगवेगळ्यो शारिरीक हालचाली करप. | -- |
| बालवाटिका 1 | आवाज | आवाज निर्मिती | 2. स्वताचो आवाज शरीर, वस्तू आनी वाद्यांचो वापर करून वेगवेगळ्यो ध्वनी निर्माण करप. | 1. प्राण्यांचे आनी पक्ष्यांचे तोंडान आवाज काडप. देख– म्यांव–म्यांव–म्यांव, काव–काव–काव.<br>2. शरीर अवयवाचों वापर करून वेगवेगळे आवाज काडप. देख– टाळयो वाजोवप, पाय आपटप, बाक वाजोवप.<br>3. वस्तूंचो वापर करून आवाज काडप.<br>4. वाद्यांचो वापर करून आवाज निर्माण करप. | बाक, पेन, पट्टी, टेबला, चमचो, वाटी, पेलो, डबो |
| बालवाटिका 1 | आवाज | आवाजातली चडउतार, पट्टी | 3. आवाज, शरीर, वस्तू हांचो वापर करतना वा साधनां वांगडां खेळतना आवाजाची मात्रा (ल्हान आनी व्हडलो) आवाजाची पट्टी (तीव्र आनी मृदू) हांचे वांगडा प्रयोग करता. | 1. वंदे मातरम् सारक्यो घोशणां दिवप.<br>2. इश्ट–इश्टिणीक दूर उबें करून उलो मारप.<br>2. मागीर लागी हाडून उलो मारप.<br>3. पेलो, तांबो वा एखादे आयदन तोंडा मूखार धरून उलोवप. तोंडा मूखार कायच न धरता उलोवप.<br>4. सकयल दिल्ले पद्धतीन उलोवन फरक स्पश्ट करप. देख– बोवाळ करप, हळू उलोवप, कुजबुजप. | घोशणां, पेलो, तांब्यो, आयदन |
| बालवाटिका 1 | योग | शांतता, स्थिरता | 4. दिसपट्टे घडणूकांत शांतता आनी स्थिरता हांचो वापर करता. | 1. प्रार्थनेच्या वेळार शांत, स्थिर बसप.<br>2. राष्ट्रगीत चालू आसतना स्थिर उबे रावप.<br>3. दोळे मिटून शांत बसप.<br>4. 'पुतळो' (स्टॅच्यू) हो खेळ खेळप.<br>5. सावधान, विश्राम करप.<br>6. बाटलेंत पाणी भरप.<br>7. दिवो लावप. | प्रार्थना, राष्ट्रगीत, खेळ, बाटली, पाणी, दिवो. |

| ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेंत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करतात आनी तांच्यो भावना अर्थपुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेच्या माध्यमातल्यान उक्तायतात.<br>क्षमता : C-12.3 भुरगों कलेच्या माध्यमातल्यान स्वताच्यो कल्पना आनी भावना उक्तो करपा खातीर सर्जनशीलता आनी कल्पकतेचो उपयोग करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 1 | शिल्प | क्षेत्रभेट | 1. सरभवतण, थळावी संस्कृती आनी कलेचे नमुने हांचे निरिक्षण करता आनी तांचो स्वअभिव्यक्तीकडेन सहसंबंद जोडटा. | 1. परिसरातली सांस्कृतीक, ऐतिहासीक सुवांतीक भेट दिवप. शिल्प, बांदकाम, इतिहास हांचे विशीं भासाभास.<br>2. दृक्‌श्राव्य माध्यमातल्यान छायाचित्रां दाखोवन सांस्कृतीक आनी ऐतिहासीक सुवाताची, शिल्पांची म्हायती दिवप.<br>3. कला आनी संस्कृती हाचेर आदारीत सांस्कृतीक कार्यक्रम पळोवप. भुरग्यांक अशें कार्यक्रमात सहभागी जावपाची संदी दिवप. | सांस्कृतीक, ऐतिहासीक सुवात, शिल्पा, दृक्‌श्राव्य, सांस्कृतीक कार्यावळ |
| बालवाटिका 1 | कला | नृत्य, संगीत | 2. वस्तू, व्यक्ती आनी भावनीक अणभव हांची प्रतिकात्मक अभिव्यक्ती करपा खातीर वेगवेगळी दृश्या, प्रतिमा, शारिरीक हालचाली आनी आवाज निर्माण करता. | 1. वाद्याच्या तालाचेंर मुक्तपणान सर्जनशील हालचाली आनी मुद्रा करप.<br>2. रस्त्यावयल्यो वस्तू विक्रेतो, ट्रॅफिक पोलीस हें सारक्यो भूमिका सादर करप.<br>3. हांसपाचो, रडपाचो, रागावपाचो अभिनय करप.<br>4. डबो, ताट, वाटी, चमचो हें सारक्यो वस्तू वापरून सर्जनशील ध्वनी निर्माण करप. आवाज वाडोवप, कमी करप, गती वाडोवप, कमी करप. | वाद्यांची धून, मोबायल, डबो, ताट, वाटी, चमचो |

| ध्येय : CG-12 भुरगीं दृक् आनी ललित कलेंत आपली क्षमता आनी संवेदनशीलता विकसीत करतात आनी तांच्यो भावना अर्थपुराय आनी आनंददायक मार्गान कलेच्या माध्यमातल्यान उक्तायतात.<br>क्षमता : C-12.5 वेगवेगळ्यो कला, स्थानिक संस्कृती आनी वारसो हांची निर्मिती करतना आनी अणभव घेतना वेगवेगळ्या प्रकाराच्यो प्रतिक्रियांक प्रतिसाद दिता आनी अपूरबाय करता. | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| **स्तर/ यत्ता** | **घटक** | **उपघटक** | **अध्ययन निश्पत्ती** | **अध्ययन अणभव** | **अध्ययन साधना** |
| बालवाटिका 1 | कला | रसग्रहण, अभिव्यक्ती | 1. कलाकृतींबाबत आवडीनिवड आनी हेंर मत व्यक्त करतना शाब्दीक/ अशाब्दीक प्रतिसाद दिता. | 1. नाटकातल्यो भूमिका आवडली जाल्यार स्वता टाळयो वाजोवप. नाटक सोपले उपरान्त आवडिल्ले वाक्य, उतर स्वता म्हणप.<br>2. चित्रांतले रंग, आकार हें विशीं भुरग्यांक मत व्यक्त करपाची संदी दिवप.<br>3. भुरग्यांनी संभाशणात चित्र, नक्षीकाम, नाटिका हें विशीं उलोवप. | नाटिका, चित्रां, नक्षीकाम |
| बालवाटिका 1 | कला | सहयोग | 2. कलेशी संबदीत कृतीत हेरांच्या उपस्थितीची दखल घेता. | 1. पंगडांत केल्या मुक्त हालचालीच्यो नृत्यांत हेरांच्या हालचालीक सकारात्मक प्रतिसाद दिवप.<br>2. पंगडांत ठोकळ्यांची रचना करतना हेरांक सहकार्य करप.<br>3. कोलाजकाम, ठसेकाम करतना हेरांक पूरक कृत्ती करून कलाकृती सुंदर करपाक यत्न करप. | नृत्य, ठोकळे, कोलाजकामाखातीर लागपी साहित्य |

**विकास क्षेत्र : सकारात्मक अध्ययन सवयो (मनोमय आनी विज्ञानमय)**

ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. तें खातीर शालेय वर्गां सारक्या औपचारीक अध्ययन वातावरण सक्रिय रावपाक जाता.

क्षमता : C-13.1 अवधान आनी हेतुपुरस्पर कृती : विशिश्ट ध्येय प्राप्तीखातीर नियोजन, अवधान केंद्रीकरण मार्गदर्शीत कृती करप, कौशल्य संपादीत करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | एकाग्रता | 1. कमी कालावधी खातीर स्वताच्या कृतीचेर लक्ष केंद्रित करता. (देख- कोडी सोडोवप) | 1. ठोकळ्यांच्यो मनोरा रचप.<br>2. चित्रांचे कापिल्ले दोन-तीन भाग एकठाय दवरून चित्र तयार करप.<br>3. रंगांच्यो जोड्यो लावप.<br>4. दोळें धापून परिसरातलें आवाज आयकप. | रंग, कागद, मणी, दोरो, कांदो, बटाट, रंग, बियो, खडे, फुलां, पानां, चित्रपुस्तक |
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | एकाग्रता, अभिरुची | 2. गुंतोवन दवरपी एका वा दोन कृतींत अभिरूची टिकोवन दवरता. (देख- 5-10 मिनिटां खातीर ज्ञानेंद्रियाक चालना दिवपा खातीर साहित्या वांगडा खेळता.) | 1. चित्रां रंगोवप<br>2. मणी दोऱ्यांत घालप.<br>3. ठसेकाम करप<br>4. कोलाजकाम करप.<br>5. चित्रपुस्तकांतल्या चित्रांचें निरीक्षण करप. | रंग, कागद, मणी, दोरो, कांदो, भेंणो, बटाट, रंग, बियो, फातर, फुलां, पानां, चित्रपुस्तक |

ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. तें खातीर शालेय वर्गां सारक्या औपचारीक अध्ययन वातावरण सक्रिय रावपाक जाता.

क्षमता : C-13.1 स्मृती आनी मानसीक लवचिकता सरंचित वातावरणात अध्ययन सोंपें जावपा खातीर योग्य कार्यकारी स्मृती, मानसीक लवचिकता, स्वयंनियंत्रण विकसीत करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | स्मरणशक्ती विकास | 1. काणी याद करून सांगप वा समोर नाशिल्ल्या चित्रांचे वर्णन करप, हें सारकें कृतींच्या माध्यमातल्यान लक्षात दवरपाचो सराव करता. | 1. परिचीत काणी सांगप.<br>2. परिचीत गाणी म्हणप.<br>3. भासाभास करतना भुरग्यांक घरां घडिल्ल्यो घडणूको याद करपाक सांगप.<br>4. सुवातीक भेट दिले उपरांत भुरग्यांनी कितें पळयलें तें सांगपाची संदी दिवप.<br>5. चित्रफीत दाखोवप. ती दाखोवन जाले उपरांत तें संबंदी भासाभास करप.<br>6. वस्तू भुरग्यांक दाखोवप. मागीर कपड्यान धापोवन स्मरणशक्तीचो खेळ घेवप. | काणी, गाणे, इतिहासीक, सांस्कृतीक सुवात, चित्रफीत, वस्तू, कपडो |
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | स्मरणशक्ती | 2. परिचीत वातावरणांत साहित्य खंय दवरला तें याद करता. (कपाटातलो चड कपडो काडून दाखयता) | 1. अध्ययन कोनशांतलो एखादो खेळ हाडपाक सांगप.<br>2. चित्रपुस्तकात दवरिल्ले पत्रक घरां आवयक दिवपाक सांगप. | खेळप, पत्रक |

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | स्वयं नियंत्रण | 3. दिसपट्टे कामाच्या बदला वांगडां समायोजन करता. | 1. आडमेळी पार करून फुडें वचपाचो खेळ खेळप. चलपाच्या मार्गात मदीं टायर, विटो, भुंयार हें सारकें आडमेळी दवरप.<br>2. क्रियाकलाप घेतना अध्ययन कोपऱ्यात, अर्धवर्तुळात रांगेत वेगवेगळ्या पद्धतीन बसपाची संदी दिवप.<br>3. वर्गांत खोडवान आखून दिल्ल्या रस्त्यावेल्यान गाडी चलोवपाचो खेळ खेळप. वाहतुकीच्या सुचवणे प्रमाण कृतीत बदल करप. | टायर, विटो, खड्डू, सुचोवणी फलक |
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | मानसीक लवचिकता | 4. दोन कृती मदल्यो बदलाच्यो खुणो वळखता. | 1. गोलाकार बसून 'नायकाच्या' leader कृतीप्रमाण आपणे कृती बदलप.<br>2. नृत्य करतना शिक्षिकेच्या कृतीप्रमाण आपणे कृती करप. | खेळ, नृत्य |
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | मानसिक लवचिकता | 5. दिसपट्टें वांगडां समायोजन करप. | 1. सैम भोंवडी, सुवातभेट हें सारकें दिसपट्टे जीणेंत बदल हाडपी उपक्रम घेवप.<br>2. सांजवेळार सादर जावपी सांस्कृतीक कार्यक्रमात, उत्सवात भुरग्यांक सहभागी जावपाची संदी दिवप. | सैमभोंवडी, ऐतिहासीक-सांस्कृतीक सुवातो, सांस्कृतीक कार्यक्रम, उत्सव |
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | शिस्त, नियम पालन | 6. जाणटें मनशांचे सहकार्यान थोड्या वेळा खातीर संदी घेता आनी रांगेत वाट पळोवपाची सुरवात करता. | 1. खावपाचें पदार्थ वाटता आसतना आपली पाळी येता मेरेन रांगेत उबें रावप.<br>2. क्रियाकलाप करतना, खेळतना आपली पाळी येता तो मेरेन वाट पळोवप. | पदार्थ, क्रियाकलाप |

ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. तें खातीर शालेय वर्गा सारक्या औपचारीक अध्ययन वातावरण सक्रिय रावपाक जाता.
क्षमता : C-13.3 निरिक्षण, अजाप, उत्सूकता आऩी सोद. वस्तूंच्या सूक्ष्म बारकाव्याचे निरिक्षण करता. वेगवेगळ्या ज्ञानेंद्रियांचो वापर करून सोद घेता आनी अजाप दाखयता. वस्तू हाताळटा आनी प्रस्न विचारता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | निरिक्षण, अजाप, सोद | 1. बागेंत वा हेंर जागेंर आनंदान वेळ सारतात. | 1. बागेंत प्राणीसंग्रहालयात सुवातेंर, गावातली न्हंयचे देंगेर, दर्यादेंगेर उमेदीन फिरप.<br>2. झाडाच्या जमनी लागीं फांदयेंक धरून वा दोरी बांदून लोंबकळप.<br>3. बागेतल्या झोपाळ्याचेंर झुलप, घसरगुंडेवेल्यान घसरप आनी हेंर खेळ खेळप.<br>4. सैम भोंवडी करतना झाडां, पानां, फुलां, पक्षी, मळब, कुपां, फुलपांखो हांचे निरिक्षण करप आनी तेविशीं भासाभास करप. | बाग, न्हंय, दर्यो, झाडां, दोरी, झोपाळो, खेळ, सैम |
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | निरिक्षण, अजाप, सोद | 2. जाणटें व्यक्तींच्या मदतीन सरभवतणींच्या परिसराचो सोद घेवपा खातीर अजाप दाखयता. | 1. झाडां, पानां, फुलां, न्हंय, कुपां हांचो फोटो काडप.<br>2. बहिर्गोल भिंगातल्यान पानां, फुलां, खडे हांचे निरिक्षण करप आनी संभाशण करप.<br>3. दुर्बिणीतल्यान पक्षी, कुपां, दोंगर, न्हंय, दर्यो हांचे निरिक्षण करप. | झाडां, पानां, फुलां, न्हंयो, दर्यो, कुपां, दोंगर, दुर्बिण |

ध्येय : CG-13 भुरगीं अध्ययनाच्यो सवयो विकसीत करतात. तें खातीर शालेय वर्गां सारक्या औपचारीक अध्ययन वातावरण सक्रिय रावपाक जाता.
क्षमता : C-13.4 वर्गांतले नियम, वर्गांतले नियम समजपूर्वक स्वीकारता आनी ताचें पालन करता.

| स्तर/ यत्ता | घटक | उपघटक | अध्ययन निश्पत्ती | अध्ययन अणभव | अध्ययन साधना |
|---|---|---|---|---|---|
| बालवाटिका 1 | सकारात्मक सवयो | नियमाचें पालन | 1. वर्गांतले नियमा खातीर जाण्टे व्यक्तींच्या वर्तनाचे निरिक्षण करता आनी अनुकरण करता. | 1. शिक्षकांन वर्गांत नियमाचे पालन करून भुरग्यांच्या लक्षात हाडून दिवप.<br>2. नियमा विशीं भुरग्यांकडेन संभाशण करप.<br>3. बोलक्यो बावल्यांचो संवादांतल्यान नियमाची म्हायती दिवप. | बोलक्यो बावल्यो |

राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद, पर्वरी–गोवा